**मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक ईस्टर सणाची परबीं**

ता. 3 एप्रिल 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक ईस्टर सणाची काळजासावन परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, ईस्टर हो शूभ प्रसंग जावन आसा. ह्या प्रसंगार आमी जेजू क्रिस्ताच्या पुनर्जीवनाची- बऱ्या गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताची खुशालकाय मनयतात. ह्या प्रसंगार जेजू क्रिस्तान मानवजातीक दिल्ल्या मोग, त्याग, भोगसण, दया आनी भावपणाच्या म्हान संदेशाचो संवसार उगडास करता.

ईस्टराची परब मनयताना आमी आमच्या दिसपट्टे जीणेत ही आदर्श तत्वां आचरणात हांडपाचो प्रयत्न करूया, जेणे करून हे जग जीणेखातीर बरें स्थान जातलें.

ईस्टराची परब ह्या वर्सा सगळ्यांच्या जीणेत चड शांतीकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें मुख्यमंत्री संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/364

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji